प्रादेशिक खबरो   २३.१२.२०२५   @ ७.२५ am

रश्मी   340

जिल्हो पंचायत वेंचणुके खातीरचो निकाल जाहीर जालो. दोनुय जिल्यात भाजपाक स्पष्ट बहुमत मेळला. गोंयच्या मतदारांनी उत्तर तशेचं दक्षीण गोंयांत भाजपाच्या आनी युतीच्या उमेदवारांक  जैतीवंत केल्या खातीर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या मतदारांचे उपकार मानल्यात. सर्वांगिण उदरगत करपाखातीर भाजपाचे डबल इंजिनाचे सरकार ह्यानफुडे लेगीत अशेच नेटान काम सुरु  दवरतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.भाजपान ४० भाजपाचे, युतीचे ३ असे एकुण ५० तले ४३ उमेदवार उबे केल्ले. कांय कडे  जर आमी  हरल्यात थंय आम्ही कमी पडले,खुप कमी मार्जिनान आमी  ह्या सुवातींचेर हरल्यात , मात थंय परत भाजपा घटमुट करपाक  पक्ष काम करतलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

Byte- cm

पणजे भाजप मुख्यालयात जाल्या  पत्रकार परीशदेक  राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो, भाजपाचे फुडारी विनय तेंडुलकार हाजीर आशिल्ले. दक्षीण गोंयात लेगीत भाजपाक मतदारांचो बरो प्रतिसाद मेळ्ळा,जाल्यार मतदारांनी कॉंग्रेसीक न्हंयकारल्यात मशिनांत  घोळ करुन वोट चोरी करुन भाजप जिखता अशे म्हणीत  आरोप करपी विरोधकांक  जिल्हो पंचायत वेंचणुक  बॅलेट पेपरात  वेंचणुक  घेवन भाजपान पारदर्शकतेन  , आनी लोकांच्या विस्वासाचेंर पात्र भाजपा थारल्यात अशे प्रदेसाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणला. गोंय सुशासना वांगडा आणि पुरोगामी राजकारणा वांगडा उबें आसा. जिलो  परिशदेचे वेंचणुकेंत भाजपा-एमजीपी युती  परिवाराक भरभरून  आदार दिल्ल्या खातीर गोंयांतल्या म्हज्या भाव-भयणींचे उपकार मानतां. हाका लागून गोंयचे उदरगती खातीर आमच्या यत्नांक चड बळगें मेळटलें. ह्या सोबीत राज्यांतल्या लोकांचीं सपनां आनी आकांक्षा पुराय करपाक आमी कटिबद्ध आसात.आमच्या मेहनती एनडीए कार्यकर्त्यांनी तोखणायेचें काम केलां, जाका लागून हो निकाल मेळ्ळा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आपल्या संदेशात म्हणला. हे वेच्नुकेचो सविस्तर निकाल असो आसा.

श्रीकृश्ण हरमलकार राघोबा कांबळी महेश्वर गोवेकार नारायण पालयेकार फ्रिन्झिलिया रोड्रीग्स अमित अस्नोडकार रेश्मा बांदोडकार- संदिप साळगावकार रघुवीर कुंकळ्येकार गौरी कामत सिध्देश नायक पद्‌माकर मळीक महेश सावंत सुधाकर नायक नामदेव च्यारी-निलेश परवार प्रेमनाथ दळवी- समिक्षा नायक प्रितेश गांवकार पुनम सामंत गौरी शिरोडकार मोहन गांवकार रूपेश देसाय राजश्री गांवकार -सिदार्थ गावस देसाय अंजली वेळीप अजीता लोलयेकार सुनिल गावस. मगो चे उमेदवार गणपत नाईक, तारा हडफडकार, कुंदा मांद्रेकार, अदिती गावडे मेरी उर्फ मारिया मिनेझिस निलेश कांबळी अँथनी ब्रागांझा ज्युलियो फर्नांडीस लुईझा रोड्रीगिश फ्लोरियानो फर्नांडीस संजय वेळीप astra disilva मालिफा कार्दोझ सुमित्रा पागी. एस्परेन्सा ब्रागांझा तृप्ती बकाल. इनासियो पिंटो आन्तानियो फर्नांडीस हे जैतीवंत जालयात

जी राम जी 40

विकसित भारत रोजगार हमी आनी आजीविका अभियान ग्रामीण, म्हणजे जी राम जी विधेयक 2025क राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मंजुरी दिली. संसदेन हे विधेयक हालींच सोंपिल्ल्या शियाळी अधिवेशना वेळार मंजूर केल्ले. हो कायदो विकसित भारत२०४७ च्या राष्ट्रीय दृष्टिकोना कडेन सुसंगत अशी ग्रामीण विकासाची चौकट स्थापित करपाचो प्रयत्न करता.

NSD 90

गोंयच्या न्यायालयान ‘बर्च बाय रोमियो लेन’ नाईट क्लबाचे धनी सौरभ लुथरा आनी गौरव लुथरा हांचे आड पुलीस कोठडी पांच दीसानी वाडयली . ह्या म्हयन्याच्या 6 तारखेक क्लबांत व्हड प्रमाणांत लागील्या उज्यांत 25 जाणांक मरण आयलें. हे घडणुके उपरांत हे दोग भाव थायलंडाक पळून गेले आनी 17 डिसेंबराक त्या देशांतल्यान तांका परत हाडले. ह्या क्लबाचो आनीक एक मालक अजय गुप्ता हाका पुलिसांनी ताब्यांत घेवपाची मागणी करूंक नाशिल्ल्यान न्यायालयान, ताका न्यायालयीन ताब्यांत दवरला.आतां मेरेन आठ जाणांक अटक केल्या, जाल्यार पुलिसांनी युनायटेड किंगडमांत पळून गेल्ल्या आरोपीं ब्रिटिश

नागरिक सुरिंदर कुमार खोसला आड ब्लू कॉर्नर नोटीस जारी करपाची प्रक्रिया सुरू केल्या.

क्रिकेट 50

बायलांच्या क्रिकेटांत भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं जावपी पांच मॅचींच्या मालिकेची दुसरी टी-20 खेळ आज विशाखापत्तनमांत जातलो . हे मालिकेंत यजमानांनी 1-0 अशी आघाडी घेतल्या. कॅप्टन हरमनप्रीत कौर हाच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या भारतीय पंगडान काल रातीं विशाखापत्तनमांत जाल्ल्या पयल्या टी-20 सर्तींत श्रीलंकेक आठ विकेटींनी हारयले .

वेदर 25

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल ३२.६ आणि किमान १९.४ नोंद जाला .राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला